# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं</u>

ता. 24 डिसेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक नातलाची परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, नातला हो मोग, उत्साह आनी शांतीकायेचो सण. नातला हो येशू क्रिस्ताच्या जल्माचो सण आनी हो सण आमकां एकामेकाप्रती दया, करूणा दाखोवपाचो उगडास करून दिता.

नातलांच्या प्रसंगार आमची मना-काळजा बरेपण आनी उमेदीच्या उजवाडान प्रकाशीत जाव. आयच्या महामारीच्या काळात दुख्ख आनी अडचणीचेर मात करपाक जेजू ख्रिस्तान आमका शक्त दिव. तशेंच एकजूट आनी भावपणाचे नाते घटमुट करपाक नाताळ हो योग्य प्रसंग जावन आसा, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/765

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji